31st August 2026

8.40am

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी शांघाय सहकार संघटनाच्या, शिखर परिषदेत वाटेकार जावपाखातीर किर्गिस्तानची राजधानी, बिश्के-कात पावल्यात. परिषदेत हेर फुडाऱ्यांकडेन लेगीत, प्रधानमंत्री द्विपक्षीय चर्चा करतले.

- नेपाळांत हुवाराक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आकडो 794चेर पावलो. जाल्यार, 2 हजार 500 परस चड लोक अजुनूय बेपत्ता आसात. परतून हूवाराची शक्यताय आसा.

- बदलत्या काळा प्रमाण, भारत संरक्षण क्षेत्रात आत्मनिर्भरता साध्य करपाच्या दिशेन वेगान वाटचाल करता, अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह यांनी म्हणला.

- बायलांच्या टी-20 आशिया कप क्रिकेटांत, भारतान काल रातीं दुबयंत, थायलंडाक 94 धांवड्यांनी हरयले.

आता पुराय खबरो

PM किर्गिस्तान –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी किर्गिस्तानची राजधानी बिश्केक हांगा पावल्यात. बिश्केकात आपल्या दोन दिसांच्या दौऱ्या वेळार ते, शांघाय सहकार संघटनेच्या सदस्य देशांच्या फुडाऱ्यांकडे द्विपक्षीय चर्चा करतले. तसेच, १ सप्टेंबराक ते SCOच्या २६व्या शिखर परिषदेत वाटेकार जातले. शिखर परिषदेत संघटनेच्या स्थापनेचो २५वो वर्धापन दिस मनयतले. भारत २०१७ पासून SCOचो सदस्य आसा. प्रधानमंत्री मोदी या शिखर परिषदेत उलयतले आणि या माचयेर सुरक्षा, संपर्क आणि संधी यांसारख्या भारताच्या प्राधान्यक्रमांचेर उजवाड घालतले. शिखर परिषदेच्या निमत्तान ते फुडाऱ्यांकडे द्विपक्षीय चर्चा करतले. आपल्या दौऱ्यावेळार प्रधानमंत्री ६व्या वर्ल्ड नोमॅड गेम्स'च्या उक्तावण सुवाळ्याक उपस्थित रावतले. हो कार्यक्रम मध्य आशियाच्या समृद्ध सांस्कृतिक दायजाचो उत्सव आसा. शेनवारा थंय वचचे आदीं दिल्ल्या निवेदनांत, प्रधानमंत्री मोदी

हाणी भारताची ‘सुरक्षा, जोडणी आनी संद’ मुखार व्हरपाखातीर, आपूण उत्सुक आसा, अशें सांगलें. तशेंच भारत देश SCO वांगड्या बरोबर "आतंकवाद, वेगळेपण आनी अतिरेकी विचारसरणी" पासून मुक्त वाठारा खातीर वावुरतलो, अशें तांणी सांगलें. द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपा खातीर, राष्ट्रपती शौकत मिर्झि-योयेव हांचे कडेन उलोवणी केल्या उपरांत, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल उझबेकिस्तानांतल्या ताशकंद शाराक, दोन दिसांची यशस्वी अधिकृत भेट सोंपयली. भारत-उझबेकिस्तान संबंद ‘व्यापक रणनिती भागीदारी’ वरवींचेर मुखार व्हरपाचें, दोनूय फुडाऱ्यांनी मान्य केलें.

PM उझबेकिस्तान -

भारत आणि उझबेकिस्तानान आपली परस्पर 'धोरणात्मक भागीदारी' ही 'सर्वसमावेशक धोरणात्मक भागीदारी' च्या स्तरार व्हरपाची घोषणा केली. या मध्य आशियाई देशान, भारताक युरेनियमची दीर्घकालीन पुरवण करपाक एक आराखडो तयार करपाक आणि 'दुर्मिळ धरतरी खनिजांच्या' उत्खनना खातीर सुवातीविशी चर्चा करपाकय सहमती दर्शयली. भारत आणि उझबेकिस्तानान वेगवेगळ्या क्षेत्रांमदी समजीकायेच्या कबलातीर सय केल्या. मजगती, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां ताशकंदांत, राष्ट्रपती शवकत मिर्जि-योयेव हांणी उझबेकिस्तानाचो सर्वोच्च राज्य पुरस्कार, ऑर्डर ऑफ ओलिय दरजाली दोस्त-लिक भेटयलो. आमच्या खबरकरांन हे विशी आदिक म्हायती दिल्या.

राष्ट्रपती मुर्मू -

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत जावपी, नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ फॅशन टेक्नॉलॉजीच्या, संयुक्त दीक्षांत सुवाळो 2026 कार्यावळीक हाजीर रावपाची आसा. देशभरांतल्या 18 NIFT कॅम्पसांतल्यान, पदवीधर विद्यार्थी एकठांय येतले आनी तांच्या शिक्षणीक प्रवासाचो उत्सव मनयतले. ह्या वेळार केंद्रीय वस्त्रोद्योग मंत्री गिरिराज सिंग लेगीत हाजीर आसतले.

नेपाळ -

नेपाळात हुंवार आयिल्ल्यान त्रिशूली-3ए प्रकल्पा सयत, वेगवेगळ्या जलविद्युत प्रकल्पांच्या बोगद्यांत आडखून पडपी, शेंकड्यांनी लोकांक भायर काढपाचे यत्न नेपाळान ,चड खर केल्यात. भारत आनी चीनांतले तज्ञां सयत, बचाव पंगड संपर्क करपाचो यत्न

करतात, पूण आतां मेरेन बोगद्यां भितरल्यान कसलोच प्रतिसाद मेळूंक ना. बेपत्ता जाल्ल्या 2 हजार 500 लोकां मदले शेंकड्यांनी लोक, नेपाळांतल्या जलविद्युत प्रकल्पांतले कर्मचारी आसात, अशें मानतात. बिरेस्तारा जाल्ल्या संकश्टांत नेपाळांत, उण्यांत उणे 794 जाणांक मरण आयलां जाल्यार 2 हजार 500 परस चड लोक बेपत्ता आसात. परतून हूवाराची शक्यताय आसा.

पीएम-सेतू -

बदलत्या काळा प्रमाण, भारत संरक्षण क्षेत्रात आत्मनिर्भरता साध्य करपाच्या दिशेन वेगान वाटचाल करता आणि आपल्या संरक्षण औद्योगिक परिसंस्थेत परिवर्तन अनुभवता, अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह यांनी म्हणला. लखनऊ हांगा आयोजित 'पीएम-सेतू' उद्योग परिषदेत उलयताना, संरक्षण मंत्यान म्हणाले की, सरकार स्वदेशी डिझाइनाक प्रोत्साहन दिता. देशांतर्गत उत्पादनाक बळकटी दिता आणि संरक्षण क्षेत्रात खाजगी तसेच एम.एस.एम.ई क्षेत्राचो सहभाग वाडयता  भारताच्या लोकसंख्या विषयक सामर्थ्याचे 'लोकसंख्या विषयक लाभांशात' म्हळ्यार (demographic dividend) रूपांतर करपाच्या दिशेन, 'पीएम-सेतू' हे एक महत्त्वपूर्ण पाऊल आसा, अशेय ताणी म्हणले.

मन की बात -

विकसीत भारता खातीर 'नशा-मुक्त युवा' मोहीम, ही व्हड प्रमाणांत तरणाट्यांच्या सहभागान, नेटान गती मेळयता, अशें मत आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळीतल्यान राष्ट्राक संबोधीत करतना, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायलें. अंमली पदार्थांचें वेसन पुराय कुटुंब आनी समाजाचेर वायट परिणाम करता. तेन्ना संगीतकार, कंटेंट क्रियेटर्स आनी भौसान, समाजीक जागृताय निर्माण करपा खातीर, आपली सर्जनशीलताय वापरची, अशें आवाहन प्रधानमंत्री मोदी हांणीं केलें. नशामुक्त भारत विशीं उलयतनां प्रधानमंत्री मोदी हांणी फुडें सांगलें, कि

देशात तयार जावपी उत्पादना खरेदी करपाचेर लोकांनी भर दिवचो, अशे प्रधानमंत्र्यांनी सांगले. प्रधानमंत्री स्वनीधि येवजण हि बायलांच्या सशक्तीकरणाक चालना दिता. हातूंत सुमार शेचाळीस टक्के लावार्थी बायलांचो आस्पाव आसा आनी सुमार 35 लाख बायलांनी हे येवजणे वरवीं आपल्या वेवसायाचो विस्तार केला, अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. स्वनीधि येवजणे विशीं अदीक म्हायती दितनां प्रधानमंत्री मोदी हांणी मुखार म्हळें, कि

Defence त्रि-सेवा -

चार सप्तकाच्या व्यावसायिक लष्करी शिक्षण आणि विचारमंथना उपरांत, त्रि-सेवा भविष्यकालीन झुज अभ्यासक्रमाची चौथी आवृत्ती, नवी दिल्लीत संपन्न जाली. हो अभ्यासक्रम मुख्यालय एकात्मिक संरक्षण दल म्हळ्यार, हेडक्वार्टर्स इंटिग्रेटेड डिफेसच्या आश्रयाखाला आयोजित केल्लो.

बायलां क्रिकेट -

बायलांच्या टी-20 आशिया कप क्रिकेटांत, भारतान काल रातीं दुबयंत, थायलंडाक 94 धांवड्यांनी हरयले. थारायिल्ल्या 20 ओव्हरींनी 9 विकेटी वगडावन, 159 धांवड्यो करून, भारतान थायलंडाक 15 पूज्य 3 ओव्हरींनी फक्त 65 धांवड्यो काडपाक दिल्यो. ताचे आदीं थायलंडान कुरुबावलो जिखून, गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. ह्या जयाक लागून भारताची ह्या सर्तींत, पाकिस्ताना आड जावपी खेळा मुखार, बरी सुरवात जाल्या. आयज दुबयंत, सांजे 8 वरांचेर, बांगलादेश आनी इंडोनेशिया गट बी मॅचींत खेळटले.

श्रीलंके क्रिकेट -

आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट मंडळान, श्रीलंका क्रिकेट प्रशासनांत सरकारी हस्तक्षेपाक लागून, श्रीलंके कडल्यान 2027 वर्सा जावपी, बायलां चॅम्पियन्स ट्रॉफीच्या उक्तावण आवृत्तीचे येजमानपणाचे हक्क, काडून घेतल्यात.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज, ओडिशा आनी छत्तीसगडात कांय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. अरुणाचल प्रदेश, बिहार, उदेंत उत्तर प्रदेश, झारखंड, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम आनी त्रिपुरा वाठारांत व्हड प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा. ईशान्य भारत, मध्य प्रदेश, मराठवाडा, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंड ह्या वाठारांनी लेगीत अशीच, हवामानाची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी शांघाय सहकार संघटनाच्या, शिखर परिषदेत वाटेकार जावपाखातीर किर्गिस्तानची राजधानी, बिश्के-कात पावल्यात. परिषदेत हेर फुडाऱ्यांकडेन लेगीत, प्रधानमंत्री द्विपक्षीय चर्चा करतले.

- नेपाळांत हुवाराक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आकडो 794चेर पावलो. जाल्यार, 2 हजार 500 परस चड लोक अजुनूय बेपत्ता आसात.

- बदलत्या काळा प्रमाण, भारत संरक्षण क्षेत्रात आत्मनिर्भरता साध्य करपाच्या दिशेन वेगान वाटचाल करता, अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह यांनी म्हणला.

- बायलांच्या टी-20 आशिया कप क्रिकेटांत, भारतान काल रातीं दुबयंत, थायलंडाक 94 धांवड्यांनी हरयले.

इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!